चामटो गिरेस्त

माणिकराव गावणेकार

1164
Story Div.
MAN

1143
Acc. no.
WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY

L: B01 - R02 (Dev.A)
1123
901164

चामटो गिरेस्त

माणिकराव गावणेकार

MOUTD KOUSHAL CENTRE LIBRARY

माणिक पद्म प्रकाशन

चामटो गिरेस्त

(बाल काणयो)

©माणिकराव गावणेकार

अक्षर जुळणी:
स्नेह ग्राफिक्स
शंकरवाडी, ताळगांव गोंय

छापणी:
प्रिंटआर्ट ऑफसेट् प्रिंटर्स
कुंडय - गोंय

प्रकाशक:
माणिकराव गावणेकार
माणिकपद्म प्रकाशन
बांदिवडें - गोंय

मोलः रू २०/-

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
1143
A, MANIKRAV
1164
Story → Dra
MAN

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 001164

चामटो गिरेस्त

एका गांवांत एक मनीस रावतालो तो खूब गिरेस्त आशिल्लो. पूण सदांच दुःखी आशिल्लो किद्याक ताका स्वताक आपूण सामको गरीब कसो दिसतालो.

तो आथुणार पडल्यार ताका न्हीद येनाशिल्ली. ताचे तकलेंत एकच विचार येतालो. राज्याचो राजा ताचे परस कितलोसोच गिरेस्त आशिल्लो राजाकडे रूपें आशिल्लें. भांगर, हिरे, माणकां, मोतयां आशिल्लीं तरी राजा लोकांकडच्यान कर वसूल करतालो. हें राजा किद्याक करता काय ? हांवें ताच्याकय गिरेस्त जावंक जाय. मागीरच हांव सूखी जातलो. मागीर हांव गरिबांक लेगीत पालव दितलो. होच विचार ताचे तकलेंत येवन तो आथुणार तळमळटालो. न्हीद क़शीच पडना जाली. एकच विचार. आपूण व्हड गिरेस्त कसो जातलों. अचकीत ताणें ताच्या कानांत एक आवाज आयकलो. "तुज्या पायांकडे एक पोती आसा. तांतूंत एक भांगराचे पवन आसा. तें पवन तूवें घेतले कीं रोखडेच त्या पोतयेंत दुसरे पवन तयार जातलें अशे रितीन तुज्यान कितलींच पवना घेंव येता. जेन्ना तुका दिसतलें की तुजेकडे भरपूर पवनां

आसात आनी तुका गरज ना तेन्ना ही पोती व्हरून न्हंयत उडोवंक जाय. आनी पोती न्हंयत उडयतकूच तुज्यान तीं पवनां वापरात हाडूं येता. तूवें जर हीं पोती तुजेकडे दवरली तर ह्या पवनांचे फातर जातले "
हें आयकल्या बरोबर मनीस खुशालभरीत जालो. ताणें पायांकडे पळेलें आनी किदें अजाप? थंय पोती आशिल्ली.



ताणे वेळ केलोना. पोतयेंत बेगीन बेगीन हात घालो. पळेल्यार ताका एक पवन मेळ्ळें. तें ताणें आथुणार दवरलें. पोतयेंत परत हात घालो. पळेंत जाल्यार थंय दुसरे पवन आसा. तेंय काडलें. अशे रितीन तो पवनां काडीत रावलो.

"खरेंच हांव कितलो नशीबवान, कितलो भाग्यवान ! म्हजे भशेन आनी कोण सूखी आसा ?"

ताणें स्वताच म्हळें..

ताणें तीं अख्खी रात त्या पोतयेंतल्यान भांगराची पवनां काडली. सकाळ जाता म्हणसर पवनांची रास जाली. ताणें थारायलें कीं सकाळ जाल्याबरोबर पोतीं न्हंयत व्हरून वडोवपाची. ताणे अशेंय थारायलें कीं हातुंतली अर्दी पवनां स्वताखातीर वापरचीं आनी अर्दी गरीबांक दिंवची म्हणून. पूण सूर्य मात उदेला, हागेलो विचार बदल्लो. आनी स्वताक म्हळें, "हांवे आनी एक दीस पवनां एकठांय केल्यार बरीं. हांव जेवी नासतना पोतयेतल्यांन पवनां काडटलो. एक दीस जेवलो ना म्हणून किदें जाता ? "

पूण जितली पवनां तो पोतयेंतल्यान काडटा तितलीं ताका आनी काडीन दिसता. पोतयेंतल्यांन एक पवन भायर काडलेबराबर आनीक एक पवन काडपाक तो रोखडोच हाक घालूंक लागलो. ताका एकेवटच्यान भूक

लागल्या, पूण ताका थांबन दिसना. एक खीण लेगीत ती पोती कडेन दवरचीं अशें दिसना.

करतां करतां ताका पोतयेतल्यांन पवनां काडपाचे पिशें कशें लागलें. एक दीस किदेंय खावप एक दीस कांयच खावप ना. दनपरां जेवल्यार रातचे जेवप ना असो जिवांक थार दिनासतना एक सात्तोळो, मागीर एक म्हयनो, मागीर एक वर्स तो पोंतयेतल्यांन पवनां काडीत रावलो. वयल्यान जाल्यार मनांत म्हणीं, "म्हज्या जाग्यार आनी कोणूय आशिल्लो जाल्यार अशे सोपे रितीन पवना मेळटा तीं काडल्याबगर रावतलो आशिल्लो." ह्या विचारान ताका खोस जाताली. आनी तो परत पोतयेतल्यांन पवनां काडीत रावतालो. ह्या वसंवसपणाक लागून तो स्वताकूय विसरलो आनी गरिबांक पालव दिवपाचो विचारूय ताचे तकलेंत येना जालो. केन्ना केन्नाय न्हंयत पोती वडोवपाक म्हणून भायर सरतालो पूण उदक पळेतकूच परत येतालो. मनांत म्हणटालो, "एकदां हांवे उदकांत पोती वडयतकूच म्हाका पवना खंयची मेळटलीं?"

अशे रीतीन कितलीशींच वर्सां गेलीं. तो म्हातारो जालो. पूण पोतयेतल्यांन पवनां काडीत रावलो, आनी एक दीस हातांत पोती घट्ट धरलेली आसतना मेलो. आनी करतां करतां पवनांचे फातर जालें.

यम आनी शिपाय

एक शिपाय आशिल्लो. ताणें राजाची तीन वर्सां सेवा केल्ली. तागेली चाकरी सोंपल्या उपरांत राजान ताका घरा वचपाक सांगलें. वतना ताणें ताका तीन भांगरा पवनां दिलीं.

शिपाय चलतां चलतां ताका तीन म्हातारे मेळ्ळे. ताणीं त्या शिपायाकडे तांका किदेंय दान कर म्हणून सांगलें.



शिपायान त्या तिनांतलें एक पवन काडलें आनी त्या तीन म्हाताऱ्यांक दिलें शिवाय फुडे वचत रावलो. वाटेर ताका आनीक तीन म्हातारे मेळ्ळे ताणींय ताका किदेंय दान-धर्म कर म्हणून सांगलें. ताणेंय तांकाय एक पवन दिलें.

शिपाय चलत रावलो. सांजवेळ जालो तेन्ना ताका आनीक तीन म्हातारे मेळ्ळे. ताणी तशेंच ताका दान-धर्म कर म्हणून सांगले. शिपायान तांचेकडे पळेलें आनी उरलेलें पवन काडून तांका दिले.

परत तो फुडें फुडें चलत रावलो. वाटेर वतना ताका विचार आयलो. "म्हजेकडे कायंच ना. हांवे आता किदें करपाचें ?"

तो चलत रावलो. आनी इतल्यांत तीन म्हातारे ताचेकडे येतात तें ताणें पळेलें. ताणीय ताजेकडे दान मागलें. ताणें आंगावेलो कोट काडलो आनी तांका दिलो.

"तूवें तुजेकडे जें किदें आशिल्लें तें आमच्याखातीर दिलें. आतां तूजेखातीर आमकां किदेंय करीन दिसता. तुज्यो किदेंय तीन मागण्यो सांग आमी त्यो पुराय करतले." त्या म्हाताऱ्यांनी सांगलें.

शिपायान विचार केलो आनी सांगलें, "बरें तर आयकात. म्हज्या बोल्सात जेन्ना म्हाका गरज लागतली तेन्ना पैशे

आसूंक जाय. ही म्हगेली पयली इत्सा. दुसरें, म्हाका गरजेवेळार जेवण मेळूंक जाय. तिसरी इत्सा. ही म्हजी पोती ज्या वस्तून भरून जाय म्हणटा तेन्ना ती वस्त त्या पोतयेंत रोखडीच येवन पडूंक जाय."

"तशेंच जावं. तुजी इत्सा देव फलद्रूप करतलो." त्या म्हातार्‍यांनी आशिर्वाद दिलो आनी अद्रुश्य जाले.

शिपाय फुडें वचत रावलो. थोड्या वेळांत ताणें मनांत म्हळें, "आतां जाणटेल्यांनी म्हाका सांगला तें खरें जाता काय तें पळोवया. काय तांणी म्हाका फटयलो ?" आपलें बोल्स रितें आसा हें ताका खबर आशिल्लें. ताणे इत्सा केली आनी बोल्सांत हात घालो. बोल्स भरून नोटी कवळे हाताक लागले. मागीर तो मात्सो वेळ बसलो आनी कपभर दूध आनी खावपाक मेळचें अशी इत्सा केली. ताका रोखडेंच कपभर दूध आनी काय खावपाक रोखडेंच मेळ्ळें. शिपाय खोशी जालो. तो थंय बसलो. खावपाक खालें, दूध पिलो. तरतरीत जालो. थंयचे कप बी नाच जालें.

इतलें म्हणसर ताणें दोन पाखे उडटा तें पळेलें. ताणें रोखडी पोती उक्ती केली आनी म्हळें, "पाख्यांनो, भितर सरात म्हजे पोतयेंत." आनी दोनूय पाखे पोतयेंत भितर आयले. ताणें पोती बांदली.

शिपाय मागीर फुडें चलत रावलो. तो एका गावांत आयलो. त्या गावांत एक व्यापारी आसा आनी तागेल्या घरांत दोन भूतां आसात आनी ताका घरांत रावपाक दिनात. ताका घर सोडचे पडलां. शिपाय तांचेकडे गेलो आनी म्हळें, "हांवे त्या दोन भुतांक घराभायर धांवणायल्यार तूं म्हाका किदें दितलो ?"

"हांव तूका बरें घर रावपाक दितलो. जीणभर तूजी काळजी घेतलो." शिपायाक जेवण बीं दिले आनी शिपाय त्या भूताच्या घरांत रातचो रावपाक गेलो.

रातच्याबारांवरांचेर व्हडलो आवाज जालो. पळेल्यार जमनीतल्यांन एका भूतान तकली वयर काडल्या.

"तुका किदें जाय ?" शिपायान विचारलें.

"हांव तुका खातलो." भूतान सांगलें.

"अर्रा ! म्हाका खातलो ? राव तुका दाखयतां. शिपायान मोठ्यान म्हळें आनी पोती भायर काडली. उघडी केली आनी आड्डलो" बेगीन भितर सर हें पोतयेंत. अशें म्हणीना बरोबर भूत भितर गेले आनी शिपायान दोरी बांदली. पोती जमनीर दवरली आनी मुठीर मुठी मारल्यो, खोटांनी मस्तीली. पोतयें भितरलें भूत वळवळूंक लागलें आनी आड्डूंक लागलें, "पायां पडटां. म्हाका आनी मारू नाका. हांव हे घर सोडून वता. म्हाका मारूं नाका. ह्या घरांत तर हांव केन्नाच येवचीना. इतलेंच न्हंय म्हजी

भुरगी, नांतरां, लेगीत ह्या घरांत परत येवची ना. हांव वतां. म्हाका ह्या पोतयेतल्यान सोड. हांव सासणांचो हांगासल्यान वता."

शिपायान ताका पोतयेतल्यांन सोडलें आनी तें नाच जालें. सकाळ जाली. व्यापाऱ्याक आपयलो. तोमेरेच्यान त्या घरांत व्यापारी आनंदान रावूक लागलो. व्यापाऱ्यान ताची काळजी घेतली. ताका जाय जाय ते दिले. अशींच वर्सां गेलीं. शिपाय म्हातारो जालो. मरण लागीं पावलें तेन्ना ताणें व्यापाऱ्याक म्हऱ्यांत आफयलो आनी सांगले, "हें पळें, आतां मरण लागीं पावला. हांव आनी थोड्या वेळान मरतलो. तेन्ना म्हाका पुरतले तांतूंत ही पोती दवर. म्हाका देवागेर वतलो तेन्ना ती म्हाका जाय." अशें सांगलें आनी तो मेलो.

पयलीं तो शिपाय नरकांत पावलो. दांडो वाजयत तो भोवूंक लागलो. हांगा म्हाका जाय ते मेळटा. "तुका जाय तें हांगा मेळटलें." आवाज आयलो. तो खुशालभरीत जालो. तो हेवटच्यान तेवटच्यान पासयो मारतालो. इतलें म्हणसर तेंच भूत ज्याका ताणें पोतयेंत घालून धोडायल्ले थंय येतालें भूतान जशें ताका पळोव नाका तें सामकें भिलें . ताणें बाकीच्या सगळ्या भूतांक सांगले, "आरे घात जालो. ह्याच शिपायान म्हाका मरसर मारलेलें. ताका

हागांच्यान धांवडावक जाय नाज्याल्यार आमकां सुखान रावंक दिवचेना."

बाकीच्या भुतांनी जशें हें आयकूं नाका सगळी भूतां थंयच्यान पळ्ळी आनी शिपायाक एकटोच सोडलो. भूतां मात्शी पयस गेली आनी ताका धांवडावपाचो विचार करूंक लागली.



एकट्यान म्हळें, 'आरे आमी आमच्या नांवाची सोर्त काडूया. ज्याचें नांव येता, ताच्यां आंगांची साल काडप आनी पीपांक लावप आनी पींप धोलाभशेन मोठ्यान धाडावप. अशें केले कीं तो शिपाय ह्या फोडांतल्यांन पळून

वतलो. मागीर आमकां हांगा सुशेगाद रावूंक मेळटले. तशें तांणी केले. आनी शिपायान तीं पीप धोडायता तें पळेलें. ताणे तागेलो दांडो धरलो आनी आड्डलो 'राव तुमकां दाखयतां' अशें म्हळे आनी तो फोंडांतल्यान भायर सरलो. तो जसो भायर सरू नाका ह्या भूतांनी फोडांत उडी मारली आनी दाराक खिळी घालून भितर रावली.

शिपाय मागीर हेवटच्यान तेवटच्यान फिरूंक लागलो. पूण रावपासारको ताका खंयच जागो मेळ्ळोना. भोंवता भोंवता ताका चित्रगुप्त मेळ्ळो ताणे शिपायाक म्हळें, "आरे तूं हांगा ? थंय स्वर्गात वाट पळेता मरे तुजी." शिपाय बेगीन बेगीन स्वर्गांत गेलो आनी देवाक मेळ्ळों. देवान सांगलें, "तूं राजवाड्या भायर दारार राव. कोणूय आयल्यार सांग." ते प्रमाण शिपाय दरवाट्या भायर राखणेचो शिपाय कसो पासयो मारीत रावलो.

इतले म्हणसर थंय यम आयलो. शिपायान ताका आडायलो. "आज्या खंय वतां ?" शिपायान ताका विचारलें.

"देवाकडे म्हजे काम आसा."

"कसलें काम ?"

"हांवे धरतरेचेर किदें करपाचें तें"

"तू हांगाच राव. हांवच वता आनी विचारून येता." शिपाय

भितर गेलो आनी यम किदें सांगता ते सांगलें. "तर यमाक धरतरेवयल्या सगळ्या जाणट्यांक घेवन यो म्हणून सांग." देवान सांगलें. शिपायान विचार केलो. आपले भाव बी जाणटे जाल्यात. म्हणून तो भायर आयलो आनी यमाक सांगले, "देव म्हणटा की फुडलीं तीन वर्सां तुवें जुनी पिंपळांची झाडां चाबडावन रावपाचे. तीन वर्सां गेली. यम परत देवाक मेळपाक आयलो. शिपायान सांगलें," हांवूच किदें करपाचें तें विचारून येता.

देवान फरमान सोडले, "ताका सांग फुडली तीन वर्सां धरतरेवयले मदल्या वयाच्या लोकांक व्हरपाचें म्हणून."

शिपायान मनांत विचार केलो. तागेले पुतणयें, पुतणयो हीं मदल्या वयाची. म्हणून भायर येवन ताणे यमाक सांगले, "तुवें फुडली तीन वर्सां मदल्या वयांची पिंपळा झाडां चाबडावन रावपाचे."

यमान ताचे उपकार आठयले आनी गेलो. पूण परत तीन वर्सांनी आयलो पळेल्यार यम बरोच सुकला. फाटले खेपो भशेनूच देवान शिपायाक सांगले, "ताका सांग फुडली तीन वर्सां तरनाट्या भुरग्यांक व्हरपाचे म्हणून."

शिपायान विचार केलो की ताची नातरां नातू सामके ल्हान आसात. तेन्ना भायर येवन ताणें सांगलें, "देव म्हणटा की फुडलीं तीन वर्सां तुवें पिंपळाचे रोपे चाबडावन

रावपाचें." यम हें आयकून येदें तोंड करून गेलो आनी परत तीन वर्सांनी आयलो. ह्या खेपो शिपायाची नदर चुकोवन देवां म्हऱ्यांत गेलो. आनी सांगले, तूवें सांगलां त्याप्रमाण फाटली णव वर्सा जुनी पिंपळा झाडां, मदले वयाची पिंपळां झाडां आनी ल्हान रोपे खावन दीस काडले. हांव सामको अर्दो उपाशी उरलो. म्हज्यान आनी काम करूं नजो. म्हाका आनी ख्यास्त करूं नाकात." खरेंच यम सामको मर्तकुडो जाल्लो. देवान ताका पळेलो आनी म्हळें, "आरे त्या शिपायान तुका फटयलो. ताणें तुका खोटेंच सांगलें. हांवे तुका झाडां खा म्हणून सांगूकच ना. तुका जाय जाल्यार ताका दुसऱ्या खेपो परत व्हर."यम बरो हांसलो.. भायर येवन शिपायाक म्हळें., "आरे, फटींगा म्हाका फटयता. आतां हांव तुकाच व्हरता."

हेवटेन शिपायान ती पोती बेगीबेगीन भायर काडली उघडली आनी आड्डलो, "यमा पोतयेंत यो." आनी यम किदें करतलो बुSSक करून पोतयेंत उडी मारली. शिपायान रोखडेच पोतयेचें तोंड बांदलें. आनी पोतीं पयस रेबो आशिल्लो तांतूत वडयली. ती पोती यमासयत भितर भितर रेब्यांत नाच जाली. तेन्ना सावन धरतरेचेर लोक सूखांत रावूंक लागलें.

मायेस्त जाणटेलो

एका गांवांत तीन भाव रावताले. भुरगेपणांतच तांचे आवय बापूय देवा घरा गेले. कोणे तरी ताकां वाडयलें ते व्हडले जाले. पुण तांका घर दार कांयच नाशिल्लें. शेताचो कुडको लेगीत नाशिल्लो. किदेंय काम मेळतकाय म्हणून ह्या गांवांतल्यान त्या गांवांत भोवूंक गेले. ते चलत रावले. वतां वतां वाटेंत तांका एक जाणटेलो मेळ्ळो.

"भुरग्यानो खंय वतांत तुमी ? जाणटेल्यान विचारलें. "खंयूय शेतार बी कसलेंय काम मेळत काय म्हणून आनी भोवत आसा." भावांनी जाप दिली.

"आमचेकडे शेताचो कुडको लेगीत ना. जर आमकां कोणेय बरे मनशान शेतार काम दिल्यार आमी सदांच कश्ट करतले आनी त्या मनशांक आमी आमचो बापुय कशे वागयतले." भावांनी जाप दिली.

"तशें जाल्यार हांवच तुमचो बापुय जातां. हांव तुमकां बरे मनीस करतलो, आनी तुमका बऱ्या मार्गान कशें रावचे तें शिकयतलों. जीणेंत सदगुण कशें केळोवचे हें तुमकां सांगतलो." जाणटेल्यान सांगलें.

"आमी तुमी सांगता तशें वागतले उजू चलणूकेन

वागतले. तूं कांयच चिंता करूं नाका." भावांनी ताका सांगले. ते ताच्या फाटल्यान गेले. व्हडल्या व्हडल्या रानांतल्यान चलत रावले. आनी शेतां माडयत एका सुंदर घराकडे पावले. त्या घराकडे पावले. त्या घराभोंवतणी सुंदर पोरसूं अशिल्लें. पोरसू व्हडलें आशिल्लें. तातूंत माड, पोपायो, चिकू, पणस, आंबे आनी तरेतरेची फुलाझाडां आशिल्ली. ते थंय पळेत उबे आशिल्ले इतले म्हणसर एक सोबीत चली घरांतल्यान भायर सरून गेली. व्हडल्या भावाक ती खूब आवडली. आनी ताणें म्हळें, "हे चलयेकडे लग्न जावपाक मेळ्ळें जाल्यार आनंद जातलो. स्वताचे शेत आनी गोरवां आसल्यार काय बरें जातलें ?"

हें आयकून जाण्टेल्यान म्हळें, "आरे म्हज्या पुता तुका तशी इत्सा आसत जाल्यार हांव तिच्याबराबर तुजें लग्न करतां. तुका तें घर शेत गोरवां सगळें दितां, पुण अट एक. उजू चलणूकडेन वागूंक जाय. केन्नाच सदगूण सोडूंक जायना. केदोय गिरेस्त जावं सदगुणांक फाट करूंक जायना. जाणट्याकडे नमळायेन वागूंक जाय. गरजेवतांक पालव दिवंक जाय."

व्हडल्या भावान तशें मान्य केलें. जाणटेल्यान ते चलये बराबर ताचें लग्न केलें आनी तें घर, शेत ताका दिलें. जाण्टेलो बाकीच्या दोन भावांक घेवन फुडें वचपाक

लागलो. फुडे वतां वतां वाटेर ताका एक सुंदर घर, ताका तेकून एक गिरण, घराक तेकून एक तळें अशा जाग्यार पावले. जाण्टेलो थंय रावलो. त्या पोरसांत एक सुंदर चली उबी आशिल्ली ती मदल्या भावान पळेली. ती चली ताका



बरी दिसली आनी पसंत पडली. ताणें म्हळें, "म्हाका ही चली पसंत पडली. हांव हिच्याबराबर लग्न जावपाक तयार आसा ती गिरणय म्हजी जाल्यार, म्हाका आवडटले. हांव कश्ट करून सुखी जातलो."जाणटेल्यान सांगलें, "बरें रे पुता, तुजी तशी इत्सा आसल्यार हांव तशें करता. तुजें लग्न तिचेबराबर करता. ती गिरण तुजीच जातली. तूं सुखान राव. पुण उजु चलणुकेपसून पयस वचूंक जायना. सदगुणाक फाट करू जायना, नाजाल्यार तुजें बरें जावचेना."

मदल्या भावान सगळें मान्य केलें आनी मागीर त्या चलयेबराबर मदल्या भावाचें लग्न करून दिलें. मागीर जाणटेलो धाकट्या भावाक घेवन फुडे वचपाक लागलो. वतां वतां वाटेर तांका एक ल्हान खोंप लागली. त्या खोपीतल्यान पिनके कपडे घाल्ली एक चली भायर आयली. पूण ती नखेत्र कशी सुंदर आशिल्ली.

धाकट्या भावान म्हळें, "म्हाका ही चली आवडली. हांव तिच्याबरोबर लग्न करपाक तयार आसा. आमी दोगांय सांगातान काम करतलीं आनी जें किदें आमकां मेळटा तें आमच्याकय जे गरीब आसात, तांच्या सांगातान खातली." हें आयकून जाणटेल्यान म्हळें, "तुजें म्हणणें म्हाका मान्य आसा. तुजे इत्सेप्रमाण हांव तुजें ते

चलयेबराबर लग्न करून दितां. पूण तुका केन्नाच उजू चलणूकेक फाट करूक मेळचीना. तुवें सदांच बरे रितीन वागूंक जाय. जाणटेल्यान तांचें लग्न केलें आनी जाणटेलो दुसरे देश भोवपाक गेलो.

कितलीशींच वर्सां गेलीं. व्हडलो भाव खूब गिरेस्त जालो. ताणे कितलीशीच घरां बांदलीं. खूब पैशे एकठांय केले. तो सदांच पैशे चड कशे करचे ह्याच विचारांत आसतालो. पूण तो सामको चामटो अशिल्लो. गरजेवंताक कांयच दिनाशिल्लो.

मदलो भाव लेगीत गिरेस्त जालो. ताणे काम करपाचें सोडून दिलें. ताणे तागेले काम करपाखातीर मनीस दवरले. फकत लोकांक हुकूम सोडूंक लागलो. सगळे दीस खावपांत, पिवपांत आनी आथुणार लोळपांत सारूंक लागलो.

पूण सगळ्यांत धाकटो भाव सगळ्यांकडे नमळायेन वागतालो. लोकांबद्दल ताका कणव आशिल्ली. ताचेकडे जें कितें आसा तें गरज आसा ताका दितालो. गरीबांचेर माया करतालो. आतां जाण्टेल्याची दाढी बरीच वाडलेली. ती सामखी धवीफुल्ल जाल्ली. तो जगभर भोंवतालो. तागेल्या मानलेल्या चल्यांक पळेल्यार खूब वर्सां जाल्लीं. ताणे थारायलें [illegible] वचचें, तांकां पळोवचें, आनी ते कशे काय

वागतात तें पारखूंचे. ताणें सामको गरीब मनीस जावपाचें चिंतलें. ताणे पिनके कपडे घाले. सामको भिकारी कसो जालो आनी पयलीं व्हडल्या भावाकडे गेलो. तो भायरच आशिल्लो. ताका ताणे नमस्कार केलो आनी म्हळें,'सायबा, गरीबाचेर दया करात. ह्या जाणटेल्याक किदेंय भाकरी बी मेळत. पोटाक भूक लागल्या.'

व्हडल्यान जाप दिली,'सामको फटिंग मरे तूं. तूं म्हातारो जाला रे. काम करूंक जायना खंय. धडधाकट आसा मरे तूं. किदेंय काम कर आनी पोट भर. म्हजेकडे कांयच ना. दुसऱ्याक मदत करपाक म्हजेकडे किदें आसा. अजून म्हाका जाय तितलें म्हाकाच मेळना. चलूंक लाग हांगाच्यान.'

हरशीं व्हडल्या भावाकडे किदें आसा हें स्वताक बरे खबर आशिल्लें. ताचेकडे कितलेशेच तांदूळ, कपडे हांचे गुदांव सगळे भरून आशिल्ले. त्याभायर लाखांनी पैशे तिजोरेंत आशिल्ले. हें जांणटेलोय बरे भशेन जाणा आशिल्लो. सगलें आसून लेगीत म्हाताऱ्याक ताणे धांवडावन दिलो.

जाणटेलो गेलो. व्हडल्या भावान उजू चलणूक सोडली, सद्गुणांक फाट केली हें कळ्ळें. एक मैल लांब वतकच जाणटेल्यान फाटल्यान पळेलें आनी व्हडल्या भावालें घर, शेत गुदांव सगळें जळून भस्म जालें. व्हडलो भाव परत गरिब जालो. आतां जाणटेलो मदल्या भावाक पळोवपाक गेलो. ताचेकडे गिरण, शेत आशिल्लें. गिरणी म्हऱ्यांतच मदलो भाव

WORLD KONKANI LIBRARY

मेळ्ळो. जाणटेल्यान ताका नमस्कार केलो आनी म्हळें,'सायबा गरीब म्हातान्याचेर दया कर. म्हाका मूठभर पीठ दिल्यार देव तुजें बरें करतलो. हांव सामको बरो ना आनी भूकेन वळवळटा. दया कर बाबा.'

मदल्या भावान जाप दिली, 'म्हाकाच कोणें किदें दिल्यार जायत. म्हाका किदें मेळटा तें म्हाकाच पावना. तुजे सारके भिकान्यांची हांका गणतीच ना. तुमकां सगळ्यांक अन्न दिवपाचो हांवें मक्तो घेतला काय किदें ? चलूं लाग बरो आयला भिकारी. पाण पोय घाल्या काय किदें?'

जाणटेलो किदें समजू जाय तें समजलो. जाणटेलो एक मैल फुडें गेलो आनी ताणें फाटल्यान पळेलें. मदल्या भावालें घर, गिरण, शेत सगळ्याचो जळून गोबोर जालो. मदलो भाव परत गरीब जालो.

आता जाणटेलो भिकान्याच्या कपड्यांनी सगळ्यांत धाकट्या भावाकडे आयलो. तागेर्ली खोपूच आशिल्ली. पूण ती नितळ आशिल्ली. थंय आयलो आनी म्हळें, गरिबाचेर दया कर धनया. हांव एक गरीब भिकारी. इल्लोसो भाकरेचो कुडको खावपाक मेळत? खूब दीस जाले म्हज्या पोटांत कांयच ना.

धाकट्या भावान रोखडेच सांगलें, आज्या घरांत यो. आमचेकडे किदें आसा तें जेवया. तूं कांयच चिंता करूं नाका. घर तुजेंच जाणटेलो घरांत आयलो. ताचे पिनके कपडे पळोवन धाकट्या भावाचे बायलेक चर्र जालें आनी तिणें ताका बरे कपडे हाडून घालपाक दिले. ते कपडे घालता आसतना

मदल्या भावान ताचे छातयेर एक व्हडलें चवन जालां तें पळेलें. ताका पूं जाल्लो आनी तें व्हांवतालें. आदीं ताका बसयलो. ताका जेवण बरें दिलें. पिवपाक दिलें आनी चवनाविशीं विचारलें. ताणें सांगलें, हांव तुमकां कांयच लिपयना. पूण हांव चड दीस काडीतसो दिसना. हें चवन पेखपाक कठीण.

ताणी विचारलें, ताचेर कांयच उपाय ना.

उपाय आसा. कोणूय म्हाका पालव दिवंक शकता. पूण कोणूच म्हाका पावतलो सो दिसना. ताणें जाप दिली. किद्याक करूंक शकना? किदें करपाचें तें सांग. आमी तें करतात. धाकट्या भावान सांगलें. बरें आसा सांगतां. तुवें तुगेल्या घराक भितर किदें वस्तू आसा ताचेसयत उजो लावंक जाय. मागीर तो गोबोर म्हज्या चवनाक लावंक जाय. आनीक दुसरो उपाय ना. जाणटेल्यान सांगलें आनी फुडें म्हळें, आपल्यालें लुकसाण करून कोण म्हाका वाचयतलो ?

धाकटो भाव मात्सो ओगी रावलो. आनी थोडो वेळ विचार करून बायलेक म्हळें, तुका किदें दिसता ? हें पळयात. आमच्यानी दुसरें घर बांदूं येता. पूण एकदा मनीस गेलो कीं तो परत जीतो जायना. बायलेन सांगलें.

खरें तुजें. आनी कांयच उलोवपाचें ना. धाकट्या भावान सांगलें. ताणी भुरग्यांक घरांतल्यान भायर कोंडलीं. धाकट्या भावान एक खीण घराकडे पळेलें. घर ना जातलें हो विचार

मनांत येवन ताका वायट दिसलें. पूण ताका जाणटेल्याखातीर इतली दया आयली कीं फाटलो फुडलो विचार करीनासतना चुट्टांची चूड पेटयली आनी घराक लायली. घराक भरभर उज्यान पेट घेतलो. आनी जणू काय उज्यान एका खिणांत घर गिळलें. पूण अजाप म्हळयार धाकटो भाव घराचो गोबोर हाडून जाणटेल्यांच्या छातयेक लायता थंय आसा, त्याच खोपीच्या जाग्यार बरें सुंदर आनी मोठें घर तयार जालें आनी जाणटेलो हांसलो आनी म्हळें, म्हज्या पूता, तीनय भावांत तूंच उजू चलणूकेंत वागता. सद्गूण म्हणजे कितें हें तूंच एकटो जाणा. भाग्याचो तूं सदांच धनी जांव असो तुका आशिर्वाद दितां.

धाकटो भाव त्या जाणटेल्याक वळखलो. तो भिकारी नाशिल्लो. तो तांगेलो मानलेलो बापूय आशिल्लो. दोगांय ताका पाया पडलीं आनी वयर पळेता म्हणसर तो जाणटेलो नाच्च जालो.

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
1143

WORLD KONKANI CENTRE,
SHAKTHINAGAR, MANGALORE

TITLE: चामटो गिरेस्त
माणिकराव गावणेकार
(बाल काणयो)

YEAR

WORLD KONKANI CENTRE
LIBRARY
SHAKTHINAGAR D. K.

Acc. No. ______________

1. Books lost, torn, defaced, marked or damaged in any way shall have to be replaced by the borrower.
2. Books issued can be recalled at any time, if necessary.

HELP TO KEEP THIS BOOK
FRESH & CLEAN